# कळंतरमूक्त शिक्षण रीण येवजणेखातीर अर्ज

ता. 28 सप्टेंबर 2017
6 आश्विन 1939

गोंय शिक्षण उदरगत महामंडळान 2017-18 शिक्षणीक वर्साखातीर कळंतरमूक्त शिक्षण रीण येवजण जाहिर केल्या. ह्या येवजणेचे नवीन आनी नुतनीकरण अर्ज गोंय शिक्षण उदगत महामंडळ, एससीईआरटी इमारत, आल्त-पर्वरी हांगा ता. 3 ऑक्टोबर ते 20 डिसेंबर 2017 मेरेन सकाळी 10.00 ते दनपरा 12.30 आनी 2.00 ते सांजवेळा 5.00 वरांमेरेन उपलब्ध आसतले.

पूराय भरिल्ले अर्ज, सगळ्या दाखल्यांच्यो प्रती तशेंच दाखल्याची सीडी (दाखल्यांचो आकार 100 केबी परस चड आनी 2 एमबी परस कमी आसचो आनी ते जेपीजी वा पीडीएए फायल प्रकारात आसचे) ता. 29 डिसेंबर 2017 मेरेन महामंडळाच्या कार्यालयात सुपूर्द करपाक जाय. उपरांत आयिल्ले अर्ज स्वीकारचे नात.

जर विद्यार्थ्यी विदेशात शिकता आसत जाल्यार पालकांनी पॉवर ऑफ ॲटर्नी होल्डर म्हुण अर्ज करपाक जाता.

2017-18 शिक्षणीक वर्साखातीर ऑनलायन अर्ज स्वीकारचे नात. ही येवजण परतफेड पद्दतीची आसून ग्राह्य दाखले आनी शुल्क पावती सुपूर्द केल्याउपरात शुल्क फारीक करतले.